**Panaji national news 6.30pm 04 .04.2025**

**द्रौपदी मुर्मू**

भारताची अध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू आयज लिस्बनाक वचपाक भायर सरली, ती पोर्तुगाल आनी स्लोव्हाकिया हांगाच्या दोन राश्ट्रांच्या राज्य भोंवडेचो पयलो पांवडो. पोर्तुगालाक भेट दितना राष्ट्राध्यक्ष मुर्मू आपल्या समकक्ष राष्ट्राध्यक्ष मार्सेलो रेबेलो द सौसा हांचे कडेन मेळटलो आनी प्रतिनिधी मंडळ पातळेचेर उलोवणी करतली. तशेंच पोर्तुगालाचो प्रधानमंत्री लुईस मांटनीग्रो आनी राष्ट्रीय सभेचो अध्यक्ष जोसेफ पेद्रू अगुइया-ब्रांको हांचे कडेन तिची भेट जातली. स्लोव्हाकियांत राष्ट्राध्यक्ष मुर्मू स्लोव्हाकियाचो अध्यक्ष पीटर पेलेग्रीनी आनी प्रधानमंत्री रॉबर्ट फिको हांचे वांगडा द्विपक्षीय बसका घेतलो. हे भेटी वरवीं भारताच्या पोर्तुगाला कडेन वाडत आशिल्ल्या संबंदांक आनीक चालना मेळटली. स्लोव्हाकिया ही भारताच्या राश्ट्रपतीची 29 वर्सां उपरांतची पयली भेट आसतली. राष्ट्रपतीचे राज्य भेटेक लागून भारत, पोर्तुगाल आनी स्लोव्हाकिया हांचे मदले द्विपक्षीय संबंद आनीक घटमूट करपाची संद मेळटली आनी भारत-युरोपीय संघाचे संबंदय घटमूट जातले.

**प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी**

फाटल्या धा वर्सांत देशाच्या चारय कोनशांक जोडपा खातीर मुळावी बांदावळ घटमूट करपा खातीर सरकारान समर्पीत यत्न केल्यात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. उब्या लिफ्ट दर्या पुलाचें उक्तावण करतना आनी 8300 कोटी रुपयांच्या प्रकल्पांची बुन्याद घालतना तांणी सांगलें, तमिळनाडूची उदरगत राष्ट्राचे उदरगतींत योगदान दिता.ह्या प्रकल्पांक रामनवमीचेर दान अशें म्हणत ताणें सांगम साहित्यांत भगवान रामाचो उल्लेख आयिल्ल्याचो उगडास केलो.

प्रधानमंत्र्यान आपल्या भाशणांत रामेश्वरांत जल्मल्ल्या आदलो अध्यक्ष अब्दुल कलामाचो उल्लेख करून विज्ञान अध्यात्माकडेन कशें जोडटा तें ताच्या जिवितांतल्यान दिसून येता अशें सांगलें. श्री मोदी हांणी पुर्विल्ले तमिळ संस्कृताय आनी भाशेचें म्हत्व सांगून तंत्रगिन्यान परंपरेक खंय मेळटा हाची एक देख म्हळ्यार पंबन पूल अशें सांगलें. उब्या उखलपाच्या दर्या पुलाक विसाव्या शेंकड्यांतलो अद्भुत अशें म्हणत तांणी पयल्या उब्या उखलपाच्या दर्या पुलाचेर काम करपी अभियंत्यांक परबीं दिली आनी तांकां उपकार मानले, जंय फुडाराक तारवां आनी गाडयो ताचो बरो उपेग करतले. हाका लागून वेवसाय, वेपार, पर्यटनाची सोय वाडटली आनी लोकांक नोकऱ्यो मेळटल्यो अशें तांणी सांगलें.फाटल्या धा वर्सांत मेळिल्ल्या वेगवेगळ्या कामगिरीची वळेरी श्री मोदी हांणी सांगली आनी रस्तो, विमानतळ, बंदर, उर्जा आनी मुळाव्या साधनसुविधां खातीर निधी स पटींनी वाडिल्ल्यान देशांत स पटींनी वाड जाल्या अशें सांगलें.

**प्रकाश नड्डा**

सत्ता आनी पद हांचे खातीर भाजपान आपले विचारसरणे कडेन केन्नाच तडजोड करूंक ना अशें भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष जगत प्रकाश नड्डा हांणी आयज सांगलें. नवी दिल्लींतल्या भाजपाच्या मुखेल कार्यालयांत पक्ष कार्यकर्त्यांक संबोधीत करतना श्री नड्डा हांणी सांगलें, पक्षाची विचारसरणी भारतीय परंपरेक आनी संस्कृतायेक संबंदीत आसा.भाजपा हो कार्यकर्तेचेर आदारिल्लो आनी भौशीक पक्षूय आसा, समावेशक आनी मानवतावादी वाड करपाक कटिबद्ध आसा आनी ताका लागून ताका संवसारांतलो सगळ्यांत व्हडलो राजकी पक्ष जावंक दिला अशें तांणी सांगलें.तशेंच श्यामा प्रसाद मूकर्जी, पंडित दीन दयाल उपाध्याय, अटल बिहारी वाजपेयी, लाल कृष्ण आडवाणी आनी जगन्नाथराव जोशी हांचो आस्पाव आशिल्ल्या जनसंघ आनी भाजपाच्या संस्थापक बापूय आनी वाद्य फुडाऱ्यांचोय उगडास श्री नड्डा हांणी केलो.फुडल्या सप्तका खातीर पक्षाचे

कार्यकर्ते सुमार 5 लाख बूथांक भेट दितले आनी जनसंघाच्या वांगड्यांक वा भाजपाच्या खंयच्याय संस्थापक वांगड्यांकय भेट दितले असोय उल्लेख श्री नड्डा हांणी केला.मजगतीं, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे वांगडा भाजप अध्यक्ष जगत प्रकाश नड्डा हांणी भारतीय जनता पक्षाच्या 45व्या स्थापन दिसा खातीर पार्टी कार्यकर्त्यांक परबीं दिल्यांत.

**राम नवमी -**

आयज देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी राम नवमी धर्मीक उर्बे उमेदीन मनयतात. ह्या उत्सवांन विष्णुचो सातवो अवतार, भगवान रामाचो जल्म जाता. अयोध्यांत, भगवान श्री रामाचो जल्मदीस मनयपाक संवसाराच्या सगळ्या कोनशांतल्यान, भक्त आयल्यात. मजगती, राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशवासियांक, राम नवमीची परबी भेटायल्या.

सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हिणे, हो उत्सव प्रतिनिधित्व करता त्या धर्म, न्याय आनी कर्तव्याच्या मुल्यांचेर भर दिलो. प्रधानमंत्री मोदी हांणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलें, की प्रभु श्री रामाचे आशीर्वाद सदांच आमचे बरोबर आसतले आनी आमच्या सगळ्या वावरांत आमकां मार्गदर्शन करतले.

**IPL क्रिकेट -**

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत, आयज हैदराबादांत, सनरायझर्स हैदराबाद आनी गुजरात टायटन्स हांचे मदीं खेळ जातलो. सांजे 7:30 वरांचेर राजीव गांधी

आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा. तीन पैकी दोन मॅचींनी जैत मेळयल्लो गुजरात, गूण तालिकेत तिसऱ्या क्रमांकाचेर आसा जाल्यार, चार पैकी फक्त एक मॅच जिखिल्लो हैदराबाद, गूण तालिकेत सकयल आसा.

मजगती, काल रातीं चंडीगढांतल्या महाराजा यादविंद्र सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांर राजस्थान रॉयल्सान, पंजाब किंग्साक पन्नास धांवड्यांनी हारयलो. काल आदीं जाल्ले दुसरे मॅचींत, चेन्नयच्या एम.ए.चिदंबरम स्टेडियमांर, दिल्ली कॅपिटल्सान चेन्नई सुपर किंग्साक पंचवीस धांवड्यांनी हारयलो. सेगीत तीन फावट जैत मेळोवन दिल्ली कॅपिटल गूण तालिकेत पयल्या क्रमांकाचेर आसा जाल्यार, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू तीनातल्या दोन मॅचींत, जैत मेळोवन दुसरे सुवातेर आसा.